**अग्नीशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयान घेतिल्ल्या निर्जंतुकरण कामाचो अहवाल**

30 एप्रील 2020
वैशाख 10, 1942

कोविड-19 च्या फाटभुंयेर अग्नीशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयान गोंयभर निर्जंतुकरणाचें काम हातांत घेतिल्लें.

संबंदीत नगरपालिकेन वा ग्रामपंचायतीन प्राधान्य दिल्ल्यो आनी नगरपालिका प्रशासन संचालनालयान शिफारस केल्ल्यो भौशीक सुवातो त्यो म्हळयार बस स्टॅण्ड वा बस थांबे, समाजीक सभाघर, बाजार, पंचायत कार्यालयां, देवळांचे वाठार, सरकारी कार्यालयां, सचिवालय संकूल, मंत्र्यांचे कक्ष, विधानसभा संकूल, नुस्त्या बाजार, इगर्जेचे वाठार, गोंय वैजकी महाविद्यालयांत कोविड-19 वॉर्ड, गोंय दांत महाविद्यालय, भलायकी केंद्रां, न्हंय येरादारी खात्यांच्यो फेरीबोटी, सी स्कॅन मरिटायम केंद्र, टॅक्सी स्टॅण्ड, खेळां संकूल, बँको, गोवा डेरी, रवींद्र भवन आनी हेर सुवातांचे निर्जंतुकरण 0.5 टक्के तीव्र सोडियम हायपोक्लोरायट द्राव वापरून क्यूआरएफटी म्हळयार क्वीक रिस्पॉन्स फायर टॅण्डर आनी उच्च दाबाची रबरी नळी (हाय प्रॅशर हावज रील होज) वापरून निर्जंतुकरण केल्या.

कोविड-19 संबंदीत कर्मचाऱ्यांक आनी वैजकी कर्मचाऱ्यांक पणजे, पर्वरी, म्हापशें, पेडणें, दिवचल, वाळपय, फोंडा, मडगांव, काणकोण सारकिल्या कामाच्या सुवातांनी हाड-व्हर करपी केटीसी बसी तशेंच गोंय दांत महाविद्यालय, गोंय वैजकी महाविद्यालय आनी नर्सींग संस्थेच्या बसींचे निर्जंतुकरण केला.

28 एप्रील 2020 दिसा मेरेन, अग्नीशमन दळान अग्नीशमन आनी आपत्कालीन घडणुकांच्या दर दिसाच्या कामा सयत राज्यभरांतल्या 2192 सुवातांचेर निर्जंतुकरण केला. दरेका अग्नीशमन स्थानका प्रमाण अहवाल असो आसा – पेडणें अग्नीशमन स्थानक 282 सुवातो, म्हापशें 364, पिळर्ण 144, वास्को 44, पोरणें गोंय 85, दिवचल 131, वाळपय 123, कुंडय 43, फोंडा 59, वेर्णा 144, मडगांव 537, कुडचडें 104, काणकोण 91, आनी अग्नीशमन दळ मुख्यालय 41.

डॅक्कन फायन कॅमिकल, खोर्ली हांणी अग्नीशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाक 10 टक्के तीव्र सोडियम हायपोक्लोरायट द्रावाचे 1400 लिटर आनी ग्लोव्स, गॉगल्स सयत पीपीई दिवन मजत केल्या. मेसर्स वेदांता (सेसा गोवा) हांणी सुरवातीच्या काळांत कॅमिकल ओवरऑल सुट्स (डिस्पोजेबल) दिवन मजत केल्या.

कोविड-19 चें निर्जंतुकरण काम हातांत घेतना खात्यान परत वापरपा योग्य 60 पीपीई म्हळयार अग्नीशमन दळाच्या अधिकाऱ्यांक घालपा खातीर शरीरभराचो संरक्षक सूट, नायटरायल ग्लोव्स, सुरक्षा गॉगल विकत घेतल्यात. ह्या निर्जंतुकरणाच्या कामाची तोखणाय लोकांनी केल्या. निर्जंतुकरणाचें काम अजून चालू आसा आनी भौशीक अधिकारिणी काम सांगता तेन्ना संचालनालय हें काम हातांत घेत रावतलें.

DI/NB/PN/JS/CN/2020/1937

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA